**TRANSLATED COPY**

**(इंग्लीशींत टंकलिखीत केल्ल्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी अणकार)**

**[1961] 2 एस.सी.आर. 222**

**द मिनरल डॅव्हलमॅण्ट लिमिटेड, कलकत्ता**

**विरुद्‌ध**

**द युनियन ऑफ इंडिया आनी हेर**

**(मुख्य न्यायमुर्ती बी. पी. सिंहा, न्यायमुर्ती जे. एल. कपूर, न्यायमुर्ती पी. बी. गजेंद्र गडकर, न्यायमुर्ती के. सुब्बा राव, न्यायमुर्ती के. एन. वांचू)**

खणकाम पट्‌टो (लीज) – हातूंत पोटपट्‌ट्याचो आसपाव जाता काय किदें – खण आनी खनीज (नियमन आनी विकसन) अधिनेम, 1948 (1948चो 53), कलम 3 (डी) खनीज सवलत नेम, 1949.

अपीलकर्ता एक मर्यादीत कम्पनी आसा, जी खणकाम पट्‌ट्याची पट्‌टेदार आसली, तांणी तांच्या पट्‌ट्यांत (लिजांत) आसपावीत आशिल्ल्या दोन गांवां खातीर पोटपट्‌टो मंजूर केलो. कम्पनीच्या सचीव आनी दोन संचालकांचेर खण आनी खनीज (नियमन आनी विकसन) अधिनेम, 1948 आनी त्या खाला तयार केल्ल्या खनीज सवलत नेम, 1949 च्या तरतुदींचें उल्लंघन केल्ल्या बद्‌दल तांचेर खटलो चलयल्लो. अपीलकर्तान, पयली म्हणल्यार, असो युक्तीवाद केलो की पोटपट्‌टो हो कायद्‌याच्या ‘खणकाम पट्‌टो’ हे व्याख्ये खाला येना आनी म्हणून हो अधिनेम आनी नेम पोटपट्‌ट्याक मातूय लागू जायना; आनी

दुसरे म्हणल्यार, हे नेम कलम 5 आनी 6 खाला तयार केल्यात, कलम 7 खाला न्ही, तशेंच हे अधिनेम आनी नेम लागू जाल्या उपरांत लेगीत हांगा पट्टेकाराचो स्वताचो पट्टो हो अधिनेम आनी नेम लागू जावचे पयलींचे तारखेर आशिल्ल्यान, पट्टेकारान दिल्ल्या पोटपट्ट्याक ते लागू जायनात.

अशें मानलें की, खण आनी खनीज (नियमन आनी विकसन) अधिनेम, 1948च्या कलम 3 (डी) हातूंत आसपावीत आशिल्ल्या “खणकाम पट्टो” चे व्याख्ये प्रमाणें, पट्टेकार मालक आसप आवश्यक ना आनी संपत्ती हस्तांतरण अधिनेम 1882च्या कलम 5 सयत वाचिल्ल्या ताचे सादे भाशेंत हें स्पश्ट जाता की, खणकाम पट्ट्यांत मालका कडल्यान पट्टेदारान निश्पादीत केल्ल्या पट्ट्या इतल्याच मालका कडल्यान निश्पादीत केल्ल्या पट्ट्याचो आसपाव आसता. पट्टेकार हो स्वता पट्टेदार आसता, आनी ताच्या वा जे व्यक्तीच्या नांवान तो पट्ट्याच्या माध्यमांतल्यान हस्तांतरण करता, ती व्यक्ती तांच्यांतल्या वेव्हाराक पोटपट्टो म्हणटात, ही वस्तुस्थिती तांच्या मदल्या हस्तांतरणाचें स्वरूप खंयचेच तरेन बदलना.

फुडें अशें मानलें की, अधिनेमाच्या 5 आनी 6 कलमा खाला तयार केल्ले नेम पोटपट्ट्याक लागू जातले, जरी ते अधिनेम आनी नेम लागू जाल्या उपरांत केल्ले आसल्यार.

**दिवाणी अपील अधिकारक्षेत्र: दिवाणी अपील क्र. 231/1955**

**मालकी हक्क दावो क्र. 105/1953 हातूंत पाटणा उच्च न्यायालयाच्या 16 फेब्रुवारी 1954 दिसाच्या निकाल आनी हुकूमनाम्या विरुद्ध अपील.**

अपीलकर्ताचे वतीन एन. सी. चॅटर्जी, संजीव चौधरी आनी गणपत राय.

सी. के. डाफ्तरी, भारताचे सॉलिसिटर जनरल, पी. के. चॅटर्जी आनी टी. एम. सेन, प्रतिवादी क्रमांक 1 खातीर.

लाल नारायण सिन्हा, बजरंग सहाय आनी आर. सी. प्रसाद, प्रतिवादी क्रमांक 2 खातीर.

31 ऑगस्ट 1960 दिसा, न्यायमुर्ती वांचू हांणी दिल्लो न्यायालयाचो निर्णय:-

पाटणा उच्च न्यायालयाच्या हुकूमनाम्या विरुद्ध केल्ली अपील आसा. अपीलकर्ता ही एक भौशीक मर्यादीत कम्पनी आसा, जिचें नोंदणीकृत कार्यालय कलकत्ता आसा. कम्पनीक रामगढच्या राजान 29 डिसेंबर 1947 दिसा रामगढ इस्टेटींत आशिल्ले 3026 गांव 999 वर्सांच्या कालावधी खातीर खणकाम पट्ट्याचेर दिले आनी अपीलकर्ताक ताचो ताबो दिलो. 1 फेब्रवारी 1950 दिसा, अपीलकर्तान तांणी दिल्ल्या गांवांनी आसपाव आशिल्ल्या दोन गांवांचो पोटपट्टो भगतसिंग हांकां 15 वर्साच्या कालावधी खातीर दिलो. दुसरे वटेन, ज्या भागांत हे दोनूय गांव आशिल्ले, थंय खण आनी खनीज (नियमन आनी विकसन) अधिनेम, (1948चो 53), (हे फुडें अधिनेम म्हणून उल्लेखीत) आनी खनीज सवलत नेम, 1949 अंमलांत आयले (हे फुडें नेम म्हणून उल्लेखीत). ताका लागून भगतसिंग हांणी नेमां प्रमाणें मान्यताय प्रमाणपत्र घेवपा खातीर हजारीबागच्या उपायुक्तां कडेन अर्ज दाखल केलो. ते उपरांत, उपायुक्तांनी, दिल्लो पोटपट्टो, हो अधिनेम आनी नेमांचें उल्लंघन करपी आसा हें लक्षांत घेवन, 25 सप्टेंबर 1951 दिसा दंडाधिकाऱ्यां मुखार अपीलकर्ताच्या दोन संचालक आनी सचिवां विरोधांत नेमांचे नेम 45 आनी 47 आनी 49 (आतांचो नेम 51) सयत नेम 51 (आतांचो नेम 53) आनी अधिनेमाचें कलम 9 चें उल्लंघन केल्ल्याचो आरोप करीत तक्रार दाखल केली. फौजदारी खटलो सुरू आसतनाच, अपीलकर्तान अधिनेम आनी नेमांची वैधताय आनी घटनात्मकतेक आव्हान दिवपी खटलो दाखलो केलो.

ह्या आव्हानाच्या समर्थनार्थ जायतीं कारणां दिलीं, पूण आतां तीं सगळीं मांडपाची गरज ना, कारण अपीलकर्ताच्या विद्वान आदवोगादान ताचे युक्तीवाद फकत दोन मुद्द्यां पुरते मर्यादीत दवरल्यात, ते म्हणल्यार (1) पोटपट्टो अधिनेमाच्या कलम 3 (डी) हातूंतल्या 'खणकाम पट्टो' हो, व्याख्ये खाला येना आनी म्हणून अधिनेम आनी नेम पोटपट्ट्याक अजिबात लागू जायना आनी (2) हे नेम कलम 5 आनी 6 खाला तयार केल्यात, कलम 7 खाला न्ही, तशेंच हे अधिनेम आनी नेम लागू जाल्या उपरांत लेगीत हांगा पट्टेकाराचो स्वताचो पट्टो हो अधिनेम आनी नेम लागू जावचे पयलींचे तारखेचो आशिल्ल्यान, पट्टेकारान दिल्ल्या पोटपट्ट्याक तें लागू जायना.

प्रतिवादींनी ह्या खटल्याचो विरोध केला आनी तांणी बचाव असो केलो की, 'खणकाम पट्टो' ह्या शब्दांत पोटपट्ट्याचो आसपाव जाता आनी अधिनेमाच्या कलम 5 आनी 6 खाला तयार केल्ले नेम, हे अधिनेम आनी नेम लागू जाल्या उपरांत दिल्ल्या सगळ्या पोटपट्ट्यांक लागू जातात.

अधिनेम आनी नेमांची वैधताय आनी घटनात्मकते विरोधांत अपीलकर्तान उपस्थीत केल्ले युक्तीवाद उच्च न्यायालयान भायर मारले. तातूंत मुखार अशें म्हणलें की, अधिनेमाच्या कलम 3 (डी) हातूंत परिभाशीत केल्ल्या प्रमाणें, 'खणकाम पट्टो' हे व्याख्येंत पोटपट्ट्याचो आसपाव आसा आनी म्हणुनूच अधिनेम आनी नेम लागू जाल्या उपरांत दिल्ल्या पोटपट्ट्यांक अधिनेम आनी नेम लागू जातात आनी अपीलकर्तान दिल्लो पोटपट्टो हो अधिनेम आनी नेम लागू जावच्या वेळा पयलींचो आशिल्लो हें म्हत्वाचें ना. ह्या दृश्टीकोनांतल्यान खटलो भायर मारलो. ते उपरांत, अपीलकर्तान प्रमाणपत्रा खातीर अर्ज केलो, तो मंजूर केलो आनी अशे रितीन हें प्रकरण आमच्या मुखार आयलां.

आर.ई. (R.e.) (i)

अधिनेमाच्या कलम 3 (डी) हातूंत परिभाशीत केल्ल्या प्रमाणें 'खणकाम पट्टो' हे व्याख्येंत पोटपट्ट्याचो आसपाव आसा काय किदें हो विचार करपा सारको मुखेल प्रस्न आसा. कलम 3 चो पोटकलम (डी) हो सकयल्या शब्दांनी आसा –

" 'खणकाम पट्टो' ह्या शब्द प्रयोगाचो अर्थ, खनीज तेलांचो सोद घेवपा खातीर, तो निश्कर्शाचेर पावोवपा खातीर, ताचे खातीर खणकाम करपा खातीर, तो प्राप्त करपा खातीर, तांकां विक्रेय योग्य करपा खातीर, तांची हाड-व्हर करपा खातीर वा विलो लावपा खातीर वा ते गजाली कडेन संबंदीत आशिल्ल्या प्रयोजनां खातीर दिल्लो पट्टो असो आसा, आनी त्या शब्द प्रयोगांत, समन्वेशण वा पुर्वेक्षण परवान्याचो आसपाव आसा;"

तातूंत पोट-पट्ट्याचो कसलोच विशेश उल्लेख ना. पूण जरी एकाद्र्यान कलम 3 (डी) हातूंत वापरिल्ल्या शब्दांचो सादो अर्थ घेतलो जाल्यार हें स्पश्ट आसा की 'खणकाम पट्टो' ह्या शब्द प्रयोगाचो अर्थ, खनिजांचो सोद घेवपा खातीर, तो निश्कर्शाचेर पावोवपा खातीर, ताचे खातीर खणकाम करपा खातीर, तो प्राप्त करपा खातीर, तांकां विक्रेय योग्य करपा खातीर, तांची हाड-व्हर करपा खातीर वा विलो लावपा खातीर वा ते गजाली कडेन संबंदीत आशिल्ल्या प्रयोजनां खातीर दिल्लो पट्टो असो आसा. हे व्याख्ये खातीर पट्टेकार हो मालक आसप आवश्यक ना हें म्हत्वाचें आसा; आनी ताका लागून न्यायबुद्दीन वाचल्यार तातूंत पट्टेदारान निश्पादीत केल्ल्या पट्ट्या इतल्याच मालका कडल्यान निश्पादीत केल्ल्या पट्ट्याचो आसपाव आसता. जरी तुमी मालमत्ता हस्तांतरण अधिनेमाच्या कलम 105 हातूंतल्या 'भाडेपट्टो' ह्या शब्दाची व्याख्या वाचल्यार, अचल संपत्तीचो भाडेपट्टो म्हणल्यार हस्तांतरितीन हस्तांतरकाराक दिल्ली वा दिवपाचें वचन दिल्ली किंमत वा नियतकालांतर्गणीक वा निर्दिश्टीत प्रसंगांत दिवपाचे पयशे, पिकाचो वांटो, सेवा वा हेर कसलीय मोलादीक वस्तू हांच्या प्रतिफलार्थ हस्तांतरकान व्यक्तपणान वा उपलक्षणान निश्चीत काळा खातीर वा शास्वत काळा खातीर आनी हस्तांतरितीन अश्या

अटींचेर स्विकारिल्ले, अशे संपत्तीचो उपभोग घेवपाच्या अधिकाराचें हस्तांतरण आसा, अशें दिसता. ताका लागून भाडेपट्ट्या खातीर हस्तांतरक आनी हस्तांतरिती आनी कलम 105 हातूंत नमूद केल्ले नेम आनी अटींचेर अचल संपत्ती हस्तांतरण आवश्यक आसा. जो मेरेन वेव्हार कलम 105 हातूंत परिभाशीत केल्ल्या स्वरुपाचो आसा तो मेरेन हस्तांतरकाक भाडेपट्टो करपा खातीर ताचो हक्क कसो मेळटा, हें म्हत्वाचें ना. ताका लागून, अधिनेमाच्या कलम 3 (डी) चे सादे शब्द आनी मालमत्ता हस्तांतरण अधिनेमाच्या कलम 105 हातूंत आसपाव आशिल्ल्या भाडेपट्ट्याची व्याख्या लागू करतना, ह्या प्रकरणांत एक हस्तांतरक (म्हणल्यार, अपीलकर्ता) आनी हस्तांतरिती (म्हणल्यार, भगतसिंग) आसात, जांणी हस्तांतरण स्विकारले, वेव्हार अचल संपत्तीच्या संदर्भांत आसा आनी विशेश कालावधी खातीर अशे मालमत्तेचो उपभोग घेवपाचो अधिकार आनी तातूंत नमूद केल्ल्या अटींचेर निर्माण करूं येता, हें सामकें स्पश्ट आसा. हस्तांतरक हस्तांतरीत केल्ले मालमत्तेचो मालक ना आनी तो स्वता पट्टेदार आसा हे वस्तुस्थितीचे फाटभुंयेर दस्तावेजाक पोटपट्टो म्हणूं येता, पूण अपीलकर्ता आनी भगतसिंग हांच्यांतलो वेव्हार हो खणकाम पट्ट्या शिवाय कांयच ना. 'पोट पट्टो', 'अंडर-लीज' (under-lease) आनी 'डिरायव्हेटीव्ह लीज' (derivative lease) ह्यो संज्ञा फकत हस्तांतरण ह्या भाडेपट्टो न्हय तर हस्तांतरक हो मालमत्तेचो मालक ना, तो पट्टेदार आसा, हें सुचीत करूंक सोयिस्करपणान वापरतात; पूण पट्टेदार आनी पोट-पट्टेदार हांचे भितरलें हस्तांतरण हें भाडेपट्टो आसा, जरी तें कलम 105 ची व्याख्या पुराय करता आसत जाल्यार. संपत्ती हस्तांतरण अधिनेमाचें प्रकरण 5, जें अचल संपत्ती भाडेपट्ट्या कडेन संबंदीत आसा, तातूंत भाडेपट्टो आनी पोट-भाडेपट्ट्या मदल्या खंयच कसलोच फरक करूंक ना आनी भाडेपट्ट्याक लागू जावपी त्या प्रकरणांतल्यो सगळ्यो तरतुदी पोट-भाडेपट्ट्याक लागू जातात, हें लेगीत तुमी जोडूंक शकतात. पट्टेदाराचे हक्क आनी दायित्वां हाताळतना संपत्ती हस्तांतरण अधिनेमाच्या

कलम 108 (जे) हातूंत अशें नमूद केला की पट्टेदाराक संपत्तींतले आपले सगळे हीत-संबंद वा ताचो खंयचोय भाग अबादीतपणान वा घाणाक दवरिल्ल्या वा पोट-पट्ट्याच्या रुपान हस्तांतरीत करूंक मेळटले, आनी थंयच एकाद्र्याक पोट-पट्ट्याचो उल्लेख सांपडटा, म्हणल्यार तो स्वता पट्टेदार आशिल्ले व्यक्तीन दिल्लो भाडेपट्टो आसा. पूण पट्टेकार हो स्वता पट्टेदार आसता आनी तातूंतल्या आनी जे व्यक्तीचे बाजून तो भाडेपट्ट्याच्या माध्यमांतल्यान हस्तांतरण करता, ते व्यक्ती मदल्या वेव्हाराक पोटपट्टो म्हणटात, ताका लागून तांच्या मदल्या हस्तांतरणाचें स्वरूप खंयच्याय प्रकारान बदलना. ते खातीर, संपत्ती हस्तांतरण अधिनेमाच्या कलम 105 सयत कलम 3 (डी) च्या साद्या शब्दांचेर 'खणकाम पट्टो' हे संज्ञेंत पोटपट्ट्याचो आसपाव आसा हातूंत दुबाव ना.

अपीलकर्ताच्या विद्वान आदवोगादान ह्या संदर्भांत कितल्याशाच कायद्यांचो संदर्भ दिला जातूंत पोटपट्ट्याचो 'भाडेपट्टो' हे संज्ञेंत आसपाव आशिल्ल्याचें स्पश्टपणान नमूद केलां. खण आनी खनीज (नियमन आनी विकसन) अधिनेम – 1957 चो 67 त, जाणें ह्या अधिनेमाची सुवात घेतली, 'खणकाम पट्टो' ह्या उतराची व्याख्या कलम 3 (सी) त केल्या, जाचो अर्थ खणकाम हातांत घेवपाच्या प्रयोजना खातीर दिल्लो पट्टो असो जाता आनी तातूंत *पोटपट्ट्याचो* आसपाव जाता. ह्या प्रकरणांतल्या उच्च न्यायालयाच्या न्यायनिवाड्या उपरांत 1957 चो अधिनेम लागू केलो आनी विधीमंडळाक *"एक्स यबुंदन्ती काउतेला"* अशें म्हणप योग्य दिसलें, पोटपट्टो 'खणकाम पट्टो' हे संज्ञेंत आसपावीत आसा. संबंदीत इंग्लीश अधिनेम तशेंच इंग्लीश मालमत्ता कायदो अधिनेम (लॉ ऑफ प्रॉपर्टी), 1925 त पोटपट्टो आसपावीत करचे खातीर भाडेपट्ट्याची व्याख्या केली. तशेंच, वस्तुस्थिती अशी, कांय अधिनेमांनी पोटपट्ट्याचो आसपाव भाडेपट्ट्याचे व्याख्येंत करतात आनी करूंक ना जाल्यार, हाचो अर्थ असो न्हय की भाडेपट्ट्यांत पोटपट्ट्याचो आसपाव आसूंक शकना. हाचे उलट एक देख म्हणल्यार संपत्ती हस्तांतरण अधिनेम, जातूंत

ह्या उतराचे व्याख्येंत स्पश्टपणान पोटपट्टो आसपावीत आसा. अपीलकर्ताचे विद्वान आदवोगाद हांणी लेगीत कांय निर्णयांचेर भर दिल्लो जातूंत म्हणिल्लें, भाडेपट्ट्यांत पोटपट्ट्याचो आसपाव ना. म्हूण, त्या निर्णयांक लागून थंय विचाराधीन आशिल्ल्या अधिनेमाच्यो विशिश्ट अटी लागू जातात आनी अधिनेमांतले 'खणकाम पट्टो' हे संज्ञेंत पोटपट्ट्याचो आसपाव आसा काय ना, हो प्रस्न निश्चीत करूंक कसलीच मदत जायना. सामान्यता विशिश्ट अधिनेमांत किदेंच नासलें तरी भाडेपट्ट्यांत पोटपट्ट्याचो आसपाव आसतलो. ह्या संदर्भांत आमी *कॅम्बरवेल आनी सावथ लण्डन बिल्डींग सोसायटी – वि. – हॉलोवे*, पान 759 मदल्या जेसल, एम. आर. हांच्या निरिक्षणाचो संदर्भ घेवंक शकता.

> "कायद्यांतलें 'भाडेपट्टो' हें उतर सुस्पश्ट, म्हत्वाची, तशेंच एक सुप्रसिद्ध कायदेशीर संज्ञा आसा. पट्टेकाराच्या हक्काक लागून संलेखाच्या वर्णनांत कसलोच फरक पडटा हें खंयच्याच आदवोगादान केन्नाच सुचोवंक ना, जरी भाडेपट्टो फ्रीहोल्डर (freeholder) वा लॉर्डच्या परवान्या परवानग्या सयत कॉपीहोल्डर (copyholder) वा स्वता पट्टोधारक आशिल्ले व्यक्तीन दिल्लो आसा काय ना. वर्साच्या कालावधी खातीर योग्य रितीन दिल्लो आसल्यार ताका भाडेपट्टो म्हणटात. हें सामकें खरें आसा, जंय भाडेपट्टो दिवपी एका मुदती खातीर धारण करता जंय, दुसऱ्या संलेखाक एकतर अंडर लीज (under lease) भाडेपट्टी वा डिरायव्हेटीव्ह लीज / भाडेपट्टी (derivative lease) म्हणटात पूण, तरीय तो भाडेपट्टोच आसता...."

कलम 3 (डी) त परिभाशीत केल्ले 'खणकाम पट्टो' हे व्याख्येंत पोटपट्ट्याचो अर्थ आसपावीत ना, अशें सुचीत करूंक आमच्या कायद्यांत किदेंच दिसना. दुसरें म्हणल्यार, ज्या प्रयोजना खातीर आनी उद्देशान हो अधिनेम लागू केल्लो, ताचे कडेन पळयतना

आमकां स्पश्ट दिसता, पोटपट्ट्याचो आसपाव ‘खणकाम पट्टो’ हे संज्ञेंत करप गरजेचें आसा, कारण ताचो अर्थ स्पश्ट रितीन कलम 3 (डी) चे संज्ञेंत साद्या उतरांनी आसा.

हो अधिनेम लोकहिता खातीर मंजूर केल्लो, हें, ह्या वस्तूस्थितींतल्यान दिसून येता, तातूंत खण आनी तेल क्षेत्राचें नियमन आनी खनिजाच्या विकसनाची तरतूद आसा. देशांतल्या खनीज संपत्तीचें संवर्धन करचें आनी तिचो दुरुपेग करिनासतना अशा प्रकारच्या कामांत कुशळ आशिल्ल्या व्यक्तींनी तें काम योग्य रितीन करचें, असो हेतू आशिल्लो. हो उद्देश लक्षांत घेवन कलम 5 त हेर गजालीं वांगडाय खणकाम पट्टो खंयच्याय अटींचेर दिवंक शकता, चडांत चड वा किमान क्षेत्र तशेंच कितल्या कालावधी खातीर असो भाडेपट्टो दिवंक शकता, तशेंच संलग्न क्षेत्राच्या संदर्भांत भाडेपट्ट्यांचें विलिनीकरण खंयच्या अटींचेर करूंक शकता, तशेंच खण कार्यरत आसा काय ना, ह्या संदर्भांत नेम करपाची तरतूद आसा. कलम 6 त खनिजांच्या संवर्धना खातीर आनी विकासा खातीर, तशेंच जे पद्दतीन खंयचेंय खनीज वा खणकाम पट्टो दिवंक मनाय आसा अशा खंयच्याय क्षेत्राच्या विकासा खातीर आनी इंजीन, यंत्र सामुग्री वा हेर उपकरणांच्या वापरा खातीर शिफारस वा नियमन करून खंयच्याय क्षेत्रांतल्या खंयच्या खनीज संपत्तीचो विकास करूंक आनी हेर नेम तयार करपाची तरतूद आसा. जरी पोटपट्ट्याचो ‘खणकाम पट्टो’ हे संज्ञेंत आसपाव करूंक नाशिल्लो तर, खण क्षेत्र आनी खनिजांच्या संवर्धन, विकास आनी नियमना खातीरच्यो ह्यो तरतुदी कमी - अदीक प्रमाणांत पुराय रितीन अपेशी थारता आसल्यो, आनी तेन्ना एकाद्रे व्यक्ती खातीर, जो कायदो टाळूंक इत्सूक आसा, तो स्वता आनी मालक हांचे भितर मध्यस्ती करून ताचे कडल्यान पोटपट्टो घेतलो, जो अधिनेम आनी नेमांच्या नियामक नियंत्रणा पासून मुक्त आसतलो. ताका लागून, आमचें मत आसा, कलम 3 (डी) सरळ उतरांनी वाचल्यार आनी ज्या प्रयोजना खातीर आनी उद्देशान हो अधिनेम लागू केल्लो ताचे कडेन पळयल्यार हें स्पश्ट जाता, पोटपट्टो ‘खणकाम पट्टो’ हे संज्ञेचे व्याख्येंत आसपावीत आसा आनी

अधिनेमांत अशें किदेंच ना जें ताच्या विरोधांत आसा. म्हणून आमी अशें ठरयतात, अधिनेम आनी नेम लागू जाले उपरांत दिल्लें खणकाम पोटपट्टो कलम 3 (डी) त परिभाशींत केल्ले प्रमाणें 'खणकाम पट्टो' हे संज्ञेंत आसपावीत आसा आनी तो अधिनेम आनी नेमांचे अधीन आसा.

आर. इ. (R.e. ) (ii)

हया संदर्भांत युक्तीवाद असो आसा, अधिनेमाच्या कलम 4 त अशी तरतूद आसा, हो अधिनेम लागू जाले उपरांत हया अधिनेमा खाला केल्ल्या नेमांक अनुसरून आसले खेरीत खंयचोच खणकाम पट्टो दिवंक मेळचो ना आनी खंयचोच खणकाम पट्टो, जो दिलो तो प्रभावहीन उरतलो आनी ताचेर कसलोच परिणाम जावचो ना. कलम 5 आनी 6 कैंद्र सरकाराक वयर नमूद केल्ल्या हेतूं खातीर आनी कलम 4 खाला दिल्ल्या खणकाम पट्ट्यांच्या संदर्भांत नेम करपाचो अधिकार दितात. ताचे उपरांत कलम 7 आसा, जातूंत हो अधिनेम लागू जावपाचे पयलीं दिल्लो खंयचोय खणकाम पट्टो उपकलम 5 आनी 6 खाला केल्ल्या नेमांच्या अनुरूप करून घेवपाचे नदरेन त्या पट्ट्याचे नेम आनी अटी हांचे भितर फेरफार वा बदल करूंक कैंद्र सरकार शासकीय राजपत्रांतले अधिसुचोवणे वरवीं नेम करूंक शकता अशें नमूद केलां. जंय अधिनेम आनी नेम लागू जावचे आदीं खणकाम पट्टो दिला, थंय अशा पट्टेदारांनी दिल्ल्या खंयच्याय पोटभाडे पट्ट्याचेर फकत 7 खाला तयार केल्ले नेम लागू जातले, जरी पोटपट्टो, अधिनेम आनी नेम लागू जावचे तारखे उपरांत दिल्लो आसलो तरी, अशें कथन केलां. आमच्या मतान कलम 7 पुराय रितीन वेगळ्या उद्देशा खातीर अधिनियमीत केल्लें, जशें ताच्या उपकलम (2) हातूंतल्यान दिसून येता. तशेंच, हया प्रकणांत फुडें वचपाची गरज ना, कारण एकदा अशें मानलां, पोटपट्टो हो 'खणकाम पट्टो' हे संज्ञेंत आसपावीत आसा तर नेम 5 आनी 6 खाला तयार केल्ले नेम अशा पोटपट्ट्याक लागू जातले जर तो अधिनेम आनी नेम अंमलांत आयले उपरांत दिल्लो

आसलो जाल्यार. प्रस्तूत प्रकरणांत, ज्या क्षेत्रा कडेन पोटपट्ट्याचो संबंद आसा अशा क्षेत्रांत अधिनेम आनी नेम अंमलांत आयले उपरांत पोटपट्टो दिल्लो आनी ताका लागून अधिनेम आनी नेमां वरवीं पोटपट्ट्याचें नियमन करतले. ह्या प्रकरणांत, कायदो लागू जावचे पयलीं मंजूर केल्ल्या खंयच्याय खणकाम पट्ट्याच्या नेम आनी अटींत बदल करपाचो वा तातूंत बदल करपाचो प्रस्न उप्रासना, अशा पोटपट्ट्याक जाका अधिनेम आनी नेम लागू केला आनी जो अधिनेम आनी नेम अंमलांत आयले उपरांत कलम 3 (डी) मदले संज्ञेचे व्याख्ये प्रमाणें खणकाम पट्टो आसा. अपीलकर्ताक दिल्ल्या खणकाम पट्ट्याच्या नेम आनी अटींत नेमां वरवीं कसलोच बदल करिनात आनी जें घडलां तें म्हणल्यार अपीलकर्ताचे संचालक आनी सचीव हांचेर कायदो लागू जाले उपरांत अधिनेम आनी नेमांचे तरतुदीं विरुद्ध पोटपट्टो (जो खणकाम पट्टो आसा) दिल्ले बद्दल खटलो चलयता. ताका लागून अपीलकर्ताच्या युक्तीवादांत कसलोच प्रभाव ना आनी ताका लागून तो भायर मारूंक जाय.

ही अपील प्रभावी ना आनी हाचें वरवीं ती खर्चा सयत भायर मारता. एके सुनावणेचो खर्च फकत.

याचिका भायर मारली.

***अस्विकरण***

*ह्या न्यायनिर्णयाचो कोंकणी भाशेंतल्या ह्या अणकाराचो वापर हो पक्षकाराक ताचे/तिचे मायभाशेंत ताचो अर्थ समजून घेवपा पुरतोच मर्यादीत आसतलो आनी ताचो हेर खंयच्याच कारणा खातीर वापर करूंक मेळचो ना, तशेंच इंग्लीश भाशेंतलो न्यायनिर्णय होच सगळ्या वेव्हारीक*

आनी कार्यालयीन वापरा खातीर विश्वासनीय आसतलो आनी तोच तातूंतल्या आदेशाच्या कार्यान्वयन आनी अंमलबजावणे खातीर वैध मानतले.

**TRANSLATED BY DIRECTORATE OF OFFICIAL LANGUAGE, PANAJI, GOA**